Panaji National 4th July 2026 8.40am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज राजस्थान आनी गुजराताक भेट दितले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सोमारा सावन इंडोनेशिया, ऑस्ट्रेलिया आनी न्यूझीलंडच्या स दिसांच्या भोंवडेर वतले.

एल निनोक लागून देशभरांतल्या कांय वाठारांनी सरासरी परस उण्या  पावसाची परिस्थिती आनी  संभाव्य दुकळ परिस्थितीचो केंद्रान नियाळ घेतलो.

भारतीय हवामान खात्यान आज गुजरात, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, ओडिशा आनी अस्तंत मध्य प्रदेशाचेत दाट उटनगराचो रेड अलर्ट जारी केला.

दादल्यांच्या क्रिकेटांत भारत आनी इंग्लंड हांचे मदीं दुसरी टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅच आयज मॅनचेस्टरांत जातली.

PM Rajasthan –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज राजस्थान आनी गुजराताक भेट दितले. राजस्थानच्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री जोधपूर विमानतळाच्या टर्मिनल इमारतीचें उक्तावण करतले आनी जोधपूरांत सुधारित उडान येवजण सुरू करतले. उपरांत ते बालोत्राक वचून सुमार 1.06 लाख कोटी रुपया मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांचे  उक्तावण, लोकार्पण करतले आनी बुन्याद घालतले. हे प्रकल्प पेट्रोकेमिकल्स, शारी येरादारी, रेल्वे, रस्ते, अक्षय ऊर्जा आनी वीज प्रसारण अशा वेगवेगळ्या क्षेत्रां कडेन संबंदीत आसात. प्रधानमंत्री बालोत्रांतल्या पाचपद्रात भारताच्या पयल्या ग्रीनफिल्ड एकात्मिक रिफायनरी आनी पेट्रोकेमिकल संकुलाचे लोकार्पण करतले. प्रधानमंत्री जयपूर मेट्रो रेल प्रकल्पाच्या दुसऱ्या टप्प्याखातीर बुन्याद घालतले.

ह्या उपरांत प्रधान मंत्री गुजरातच्या साणंद शारांत वतले, जंय ते 'भारत सेमीकंडक्टर मिशन' हाच्या अंतर्गत 'सीजी सेमी'च्या सेमीकंडक्टर असेंब्ली आनी परीक्षण संकुलाचें

उक्तावण करतले. सुमार ७ हजार ५०० कोटी रुपया खर्चून उभारिल्ल्या ह्या संकुलांत वेवसायीक उत्पादन सुरू जातलें.

PM –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सोमारा सावन इंडोनेशिया, ऑस्ट्रेलिया आनी न्यूझीलंड ह्या देशांच्या स दिसांच्या भोंवडेर वतले. काल नवी दिल्लींत मिडियाक म्हायती दितना परराश्ट्र मंत्रालयांतले सचीव (उदेंत) रुद्रेंद्र टंडन हांणी सांगले, मोदी ह्या म्हयन्याच्या ६ ते ८ तारखे मेरेन इंडोनेशियांत आसतले. तांचे मुखेल कार्यक्रम जकार्तांत जातले, पूण प्रधान मंत्री योग्याकार्ता ह्या संस्कृतीक आनी इतिहासीक शाराकय भेट दितले. योग्याकर्तांत मोदी प्रम्बानन देवूळ संकुलांक भेट दितले अशें सचिवांन सांगले. भारत आनी इंडोनेशिया थंयच्या संवर्धन कामाचेर एकठांय काम करतले अशें सचीवान सांगलें.

ह्या भेटीच्या दुसऱ्या पावंड्यात 8 ते 10 जुलय मेरेन प्रधानमंत्री ऑस्ट्रेलियांत आसतले. ह्या भेटीच्या निमाण्या टप्प्यांत प्रधानमंत्री 10 आनी 11 जुलयाक न्यूझीलंडाक वतले. थंय ते न्यूझीलंडाचे प्रधानमंत्री क्रिस्टोफर लक्सन हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले.

MEA –

इस्लामाबादकडल्यान शीमेपार दहशतवादाक सतत मेळपी पाठिंब्याच्या फाटभुयेर, 'सिंधू जल कबलात' (IWT) सध्या स्थगित स्थितीतूच आशिल्ल्याचे नवी दिल्लीन परत स्पष्ट केले. काल सांजवेळा नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना परराश्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी सांगलें, सिंधु उदका कबलाती विशीं भारताची भुमिका स्पश्ट आसा. Byte तीस्ता न्हंयच्या सर्वसमावेशक व्यवस्थापन आनी पुनरुज्जीवन प्रकल्पाचेर उलयताना जैस्वाल हांणी सांगलें, बांगलादेशांतल्या प्रकल्पां खातीर भारताची विकास मदत ही परस्पर मान्यतेन थारायिल्ल्या रोडमॅपचेर आदारीत आसा, आनी ताचो नेमान नियाळ घेतात.

Shah El Nino –

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आनी शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हांणी काल एल नीनोक लागून देशाच्या कांय वाठारांनी सरासरीपेक्षा उण्या पावसाच्या परिस्थितीचो आनी त्याच्या परिणामचो नियाळ घेतलो. एल निनोक लागून देशांतल्या कांय वाठारांनी सामान्या परस उणो पावस आनी संभाव्य दुष्काळ परिस्थिती हाचेर सरकारचे बारीक laksh आसा अशें बसके वेळार शाह हाणी सांगलें. शेतकी मंत्रालय आनी संबंदीत सगल्या मंत्रालयांक सतर्क रावपाचे आनी राज्य सरकारां कडेन समन्वय सादून शेतकारांक योग्य पिकांच्या पेरणी विशीं सल्लो दिवपाचें निर्देश तांणी दिलें.

Law justice –

कायदो आनी न्याय मंत्रालयाचो कायदेशीर बाबीं विभाग आनी विधीमंडळ विभाग मेळून आयज सावन राजस्थानच्या माउंट अबू हांगा 'सुधारणा उत्सव' आनी 'चिंतन शिबीर २०२६' हाचें जोड आयोजन करतले.मंत्रालयान सांगलां, मंत्रालयाच्या मुखेल कामगिरीचो नियाळ घेवपा खातीर, म्हत्वाच्या कायदेशीर आनी संस्थात्मक सुदारणांचेर भर दिवपा खातीर आनी 'विकसित भारत @२०४७' च्या संकल्पा प्रमाण एक आधुनिक, कार्यक्षम आनी नागरीक-केंद्रीत कायदेशीर वेवस्था उभी करपा खातीर फुडल्या वाटचालीचेर चर्चा करपाच्या उद्देशान ह्या दोन दिसांच्या कार्यक्रमाचें आयोजन केलां. कायदो आनी न्याय मंत्री अर्जुन राम मेघवाल ह्या कार्यक्रमाक हाजिर रावतले.

Panchayati Raj –

सोळाव्या वित्त आयोगाच्या शिफारशींचेर चर्चा करपा खातीर पंचायती राज मंत्रालयान काल नवी दिल्लींत राज्यांच्या पंचायती राज मंत्र्यांची एक राश्ट्रीय कार्यशाळा घडोवन हाडली. सोळाव्या वित्त आयोगान पंचायतीं खातीर ८० टक्के मुळावे अनुदान आनी २० टक्के कामगिरी-आधारित अनुदान सुचयलां अशें मिडिया कडेन उलयतना केंद्रीय पंचायती राज मंत्री राजीव रंजन सिंग हांणी सांगलें.

सोळाव्या अर्थ आयोगाच्या शिफारशी खाला 2.76 लाख ग्रामीण स्थानिक स्वराज्य संस्थांचो आस्पाव जाता अशें मंत्रालयान सांगलां.

Amarnath –
जम्मू-काश्मीरांत श्री अमरनाथ यात्रा खातीर दर दिसा हजारांनी भाविक जम्मूंत पावतात. जम्मू स्मार्ट सिटी लिमिटेडन तवी न्हंयचे देगेर भाविक, पर्यटक, आनी थळाव्या लोकां खातीर बोटींग सुविधा सुरू केल्या. ताचें उक्तावण जम्मू स्मार्ट सिटी लिमिटेडचे मुख्य कार्यकारी अधिकारी (CEO) आणि जम्मू महानगरपालिकेचे आयुक्त डॉ. देवांश यादव हाणी केले.

EC MP –
मुख्य वेचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार आज मध्य प्रदेशाच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर आसतले. कुमार आज इंदोराक पावतले, थंय ते लता मंगेशकर सभागृहंत जावपी बूथ पांवड्यावेल्या अधिकाऱ्यांच्या परिषदेत वांटो घेतले. ह्या वेळार ते इंदोर, उज्जैन, देवास, धार आनी खंडवा जिल्ह्यांतल्या एक हजार पांचश्या परस चड बूथ पांवड्यावेल्या अधिकाऱ्यां कडेन थेट संवाद् साधतले. भोंवडेच्या दुसऱ्या दिसा मुख्य वेचणूक आयुक्त ओंकारेश्वर आनी महेश्वराच्या धर्मीक आनी इतिहासीक थळांक भेट दितले.

EC –
वेंचणूक आयोगान काल 16 राज्यां आनी केंद्रशासित वेगवेगळ्या जिल्ह्यांतल्या माध्यम आनी संचारण अधिकाऱ्यांची दुसरी परिशद घडोवन हाडली. ह्या काऱ्यक्रमांत 260 परस चड अधिकाऱ्यांनी वांटो घेतिल्लो. वेंचणूक आयोगान घेतिल्लो दरेक निर्णय संविधान, वेंचणुकेचे कायदे, आनी वेळावेळार जारी केल्ल्या लेखी सुचोवण्यांचेर आदारीत आसता, आनी तो पुराय पारदर्शकतायेन घेतात अशें मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी सांगलें.

Steel –
स्टील मंत्रालय ह्या म्हयन्याच्या ९ तारखेर नवी दिल्लींत तिख्या आयाती संबंदीत मुद्द्यांचेर चर्चा करपा खातीर एका 'ओपन हाऊस' परिशदेचें आयोजन करतलें.

मंत्रालयान सांगलें की, कंपनि आनी संघटना ह्या दिसा तिख्या आयाती संबंदीत आपल्या समस्यांचेर चर्चा करतली. ही 'ओपन हाऊस' परिशद सकाळीं ११:०० वरांपासून सांजवेळा ५:०० वरां मेरेन चलतली आनी विशिश्ट वेळ स्लॉट कंपनींक आनी संघटनांक ईमेल वरवीं कळयतले.

T20 –

दादल्यांच्या क्रिकेटांत भारत आनी इंग्लंड हांचे मदीं दुसरी टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅच आयज मॅनचेस्टरांत जातली. भारतीय वेळा प्रमाण आयज सांजवेळा 7 वरांचेर मॅच सुरू जातली. पांच मॅचींच्या माळेतली पयली मॅच चेस्टर-ले-स्ट्रीटांत पावसाक लागून रद्द केली. तिसरी मॅच 7 जुलयाक नॉटिंघमांत जातली.

IMD –

भारतीय हवामान खात्यान आज गुजरात, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, ओडिशा आनी अस्तंत मध्य प्रदेशाचेत दाट उटनगराचो रेड अलर्ट जारी केला. फुडले दोन दीस उदेंत राजस्थान, उदेंत मध्य प्रदेश, कर्नाटकाचो दर्यादेगेवेलो वातार, तेलंगणा आनी विदर्भात घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय आसा.मजगतीं, काल महाराष्ट्रांतल्या जायत्या वाठारांनी घोग्यांनी पावस पडून जनजीवन विस्कळीत जाले.